गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

राज्य सैनिक मंडळाची पुर्नरचणूक

ता. 19 सप्टेंबर 2019

गोंय सरकारान राज्य सैनिक मंडळाची दोन वर्सांच्या काळाखातीर पुर्नरचणूक केल्या. मुख्यमंत्री हे मंडळाचे अध्यक्ष जाल्यार दक्षीण कमांड, पुणे, पश्चिम नौदळ कमांड, मुंबय, दक्षीण-पश्चिम एअर कमांड अहमदाबादचे सेनाअधिकारी आनी केंद्रीय संरक्षण मंत्रालयाच्या माजी सैनिक विभागाचे सचीव उपाध्यक्ष आसात. गृहमंत्री, मयेचे आमदार श्री. प्रविण झांट्ये, मुख्यसचीव, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी, पुर्नवसन संचालक, पुलीस महासंचालक, गृहसचीव, वित्तसचीव, शिक्षण सचीव, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव, दक्षीण आनी उत्तर गोंय जिल्होधिकारी, कार्मिक,गृह खात्याचे अतिरिक्त सचीव, खेळ आनी युवा वेव्हार आनी समाज कल्याण खात्याचे संचालक मंडळाचे वांगडी आसात. लॅफ्टनंट जनरल आर. के. कारवाल (निवृत्त), एस. वाय. श्रीखांडे (निवृत्त), एअर कमांडन्ट पी. के. पिंटो (निवृत्त) वामन नाईक, अध्यक्ष, अखील गोंय माजी सैनीक कल्याण संघटना, वैमानीक दळ संघटनेचे अध्यक्ष मंडळाचे अनधिकृत वांगडी आसात. गोवा फाऊंडेशनचे अध्यक्ष, पुर्नवसन महासंचालक, केंद्रीय सैनिक मंडळाचे सचीव हे खास निमंत्रीत आनी राज्य सैनिक मंडळाचे सचीव वांगडी सचीव आसात. सैनिक कल्याण खात्याच्या कामाकडेन समन्वय दवरप, आदले सैनिक आनी तांचे कुटुंबीय आनी मृत सैनिकांच्या कल्याणा खातीर उपाय करपाक मदत करप, लोकांक देशाच्या सेनादळांची म्हायती दिवप आनी युवकांक सेनादळां कडेन आकर्शीत करप अशें मंडळाचे काम आसा.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/597

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA